**राज्यांत स्वातंत्र्य दीस दबाज्यान मनयलो**

**स्वयंपुर्ण गोंयाखातीर लोकांनी सहकार्य करपाचो मुख्यमंत्र्यांचो उलो**

ता. 15 ऑगस्ट 2021

गोंयांत 75 वो भारतीय स्वातंत्र्य दीस व्हडा उमेदीन आनी दबाज्यान मनयलो. पणजे पोरण्या सचिवालयामुखार आयोजीत स्वातंत्र्य दीस सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन गोंयच्या जनतेक उद्देशून भाशण केले.

मुख्यमंत्र्यान गोंय राज्यांक सगळ्यां बाबतीत स्वयंपुर्ण करपा खातीर लोकांनी सरकाराच्या यत्नांक सहकार्य करपाचो उलो मारलो. गोंय सरकारान प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी आत्मनिर्भर भारताचो नारो दिला आनी ह्या अभियानाक अनुसरून राज्य सरकारान स्वयंपुर्ण गोंय मोहिम सुरू केल्या. गोंयाक पाले-भाज्यों, फळां, दुध, चिकन-मटन आनी हेर अत्यावश्यक गरजां बाबतीत स्वयंपुर्ण करपा खातीर सरकारान कृशी क्षेत्राचेर भर दिल्लो आसून हे उद्दिश्ट पुर्ण करपाखातीर  लोकांचो ह्या मोहिमेत सहभाग म्हात्वाचो आसा. स्वयंपुर्ण गोंयचें उद्दिश्ट पुर्ण करपा खातीर लोकांनी सरकाराच्या वेगवेगळ्यां खात्यांच्या येवजणांचो लाव घेवन शेती, डेअरी, पॉल्ट्री ह्या सारख्ये वेवसाय सूरू करपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

लोकांच्या जीणेचो दर्जो सुदारपाखातीर केंद्र तशेंच राज्य सरकारा वतीन अनेक येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता म्हणपाचे सांगून मुख्यमंत्र्यान राज्यांतल्या लोकांक 16 हजार लिटर उदक फुकट दिवपाची घोशणा केली. सरकाराच्यो कल्याणकारी येवजणो तळागाळातल्या लोकांमेरेन पावोवन तांचो फायदो लावधारकांक मेळोवन दिवपाखातीर सरकारान स्वयंपुर्ण मित्रांची नेमणुक केल्ली आसून हे स्वयंपुर्ण मित्र ग्रामीण वाठारांत वचून लोकांक साबार येवजणांची म्हायती करून दितात, तशेंच येवजणांचो लाव घेवपाक मार्गदर्शन आनी मदत करतात, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले.

गोंयांतलो बंद पडिल्लो खण उद्वेग परतून सुरू करपा खातीर खण उद्वेग म्हामंडळ स्थापन करपाची प्रक्रिया सरकारान सुरू केल्ली आसून कायद्याच्या चौकटी रावन हो उद्वेग सुरू करपात येतलो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. कोवीड म्हामारीक लागून राज्यांतल्या पर्यटन वेवसायाक बरोच मार बशिल्ल्याचें सांगून मुख्यमंत्र्यान कोवीडाची धाम कमी जाली की पर्यटन वेवसाय सुरू जातलो, म्हणपाचे सांगलें. मोपा विमानतळाचे काम नेटान चालू आसा. मोपा विमानतळ डिसेंबर 2022 मेरेन पुर्ण जावपाची अपेक्षा आसा.  नव्या जुवारी पुलाचेय बांदकाम नेटान चालू आसून  पुलाची पयली लेन डिसेंबर 2021 त उकती करपात येतली. इतिहासीक आग्वाद बंदखणीचे

रूपांतर वारसा वस्तुसंग्रहालयांत केला आनी ताचें उक्तावण मानादीक प्रधानमंत्र्यांच्या हस्तुकीं रोखडेच जावपाचे आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

कोवीड म्हामारी, पूर, वादळ अशां आपत्तींक लागून राज्यांतल्या लोकांच्या जीणेचेर परिणाम जालो. लोकांक ह्या परिस्थितीतल्यान भायर काडपाखातीर सरकारान आपतग्रस्त लोकांक मदत करपाक उपाय सूरू केल्यात. कोरोना म्हामारीच्या पयल्या आनी दुसऱ्या ल्हाराच्या काळांत आमच्या घट काळजाच्या दोतोरांनी आनी पॅरामॅडिकल कर्मचाऱ्यांनी  तशेंच कोरोना वॉरियर्सांनी आपल्या जीवाची पर्वा करीनासतना लोकांचो जीव वाचयलो, अशें तांणी म्हणलें. मुख्यमंत्र्यान गोंयच्या लोकांक राज्यांत शांतीकाय, एकजूट आनी सलोख्याची परंपरा कायम राखून राज्याच्या फुडल्या विकासाखातीर सहकार्य करपाचोय उलो मारलो.

सुवाळ्याक सभापती श्री राजेश पाटणेकर, महसूलमंत्री श्रीमती जेनिफर मान्सेरात, शार उदरगतमंत्री श्री मिलिंद नाईक, केंद्रीय पर्यटन राज्यमंत्री श्री श्रीपाद नाईक, पणजीचे म्हापौर श्री रोहित मोन्सेरात, मुख्य सचिव श्री परिमल राय, पोलीस महासंचालक  श्री मुकेश कुमार मीना, सरकारी सचिव, अवर सचिव, सरकारी खात्यांचे मुखेली, स्वातंत्र्य सैनिक आनी नगरीक उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/691

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji